*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

-

**राज्यपालाकडल्यान ईदाची परबीं**

ता. 9 नोव्हेंबर 2019

गोंयचे राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम समाजाक ईद-ई-मिलादच्या प्रसंगार परबीं भेटयल्या.

महम्मद पैगम्बराच्या जल्म दिसाच्या प्रसंगार राज्यपालान गोंयच्या लोकांक महम्मद पैगम्बरान मानवजातीक शिकयिल्लो मोग, न्याय आनी भावपणाच्या शाश्वत संदेशाचो प्रसार करपा खातीर स्वता पुर्नसमर्पित जावपाचो उलो मारला.

आयज मानवी समाज धार्मिक झगडीं, जातीय दुस्वास आनी हिंसे सारख्या वायट प्रवृत्तीनीं दुशीत जाल्लो आसतना तांच्या आदर्श तत्वांक खास म्हत्व आसा. म्हाका दिसता महम्मद पैगम्बरान शिकयिल्ल्या आदर्श तत्वांचे पालन आनी आचरण मानव जातीक शांतीकायेन, आनंदान आनी सुखदायक जीण जगपाक मदत जातली, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/790

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA